# कर्मचारी आनी मालकांखातीर  रोजगार सलग्न प्रोत्साहन येवजण

ता. 4 जुलय 2025

रोजगार निर्माण, रोजगारक्षमता आनी सामाजिक सुरक्षा वाडोवपा खातीर केंद्र सरकारान रोजगार सलग्न प्रोत्साहन (ELI) येवजण मंजूर केल्या. रोजगार निर्मितीक मजत करपा खातीर हे येवजणे अंतर्गत कर्मचाऱ्यांक आनी मालकांक  प्रोत्साहन दितात. हे येवजणे अंतर्गत पयले फावट  काम करपी कर्मचाऱ्यांक एका म्हयन्याचो पगार (15,000/- रुपयां मेरेन) मेळपाक शकता आनी  मालकाक  अतिरिक्त रोजगार निर्मिती खातीर दोन वर्सां मेरेन सुविधा दितले,  तशेंच उत्पादन क्षेत्रा खातीर आनीक दोन वर्सां खातीर वाडीव लाव दितले.

ईपीएफओ कडेन पयले फावट नोंदणी करपी कर्मचाऱ्यांक 15,000/- रुपयां मेरेन एक म्हयन्याचो ईपीएफ पगार दोन हप्त्यांनी दितले. 1 लाख रुपयां मेरेन पगार आशिल्लें  कर्मचारी पात्र आसतले. पयलो हप्तो 6 म्हयन्यांच्या सेवे उपरांत आनी दुसरो हप्ता 12 म्हयन्यांच्या सेवे उपरांत आनी कर्मचाऱ्यान अर्थीक साक्षरताय कार्यक्रम पुराय केले उपरांत दिवपात येतलो.  बचतीची सवय लावपा खातीर प्रोत्साहन रक्कमेचो एक भाग थारावीक काळा खातीर  बचत खात्यात कायम ठेव म्हूण दवरतले आनी उपरांत  कर्मचारी ही रक्कम काडपाक शकतलो.

खास करून उत्पादन क्षेत्राचेर भर दिवन सगळ्या  क्षेत्रांनी अतिरिक्त रोजगार निर्माण करपाचो उद्देश आसा. 1 लाख रुपयां मेरेन पगार आशिल्ल्या कर्मचाऱ्यां खातीर मालकांक प्रोत्साहन मेळटले.  कमीत कमी स म्हयने सेगीत रोजगार आशिल्ल्या प्रत्येक अतिरिक्त कर्मचाऱ्यां खातीर सरकार मालकांक दोन वर्सां खातीर दर म्हयन्याक 3000/-  रुपयां मेरेन मजत दितले.  उत्पादन क्षेत्रा खातीर तिसऱ्या आनी चौथ्या वर्सा खातीर लेगीत दितले.

ईपीएफओ कडेन नोंदणीकृत आशिल्ल्या आस्थापनांनी कमीत कमी स म्हयन्यां खातीर कमात कमी  दोन अतिरिक्त कर्मचारी (50  परस कमी कर्मचारी आशिल्ल्या मालकां खातीर ) वा पाच अतिरिक्त कर्मचारी (50  वा त्या परस चड कर्मचारी आशिल्ल्या मालकां खातीर )  कायम स्वरूपात नियुक्त करचे पडटले.

देशांत 2  वर्सांच्या काळात 3.5  कोटी परस चड नोकऱ्यो निर्माण करप हो रोजगार सलग्न प्रोत्साहन (ELI) येवजणेचे उद्दीश्ट आसा,  जे खातीर  99,466/-  रूपया खर्च अपेक्षित आसा आनी 1.92  कोटी पयले फावट लाभार्थ्यी अपेक्षित आसा.

हे येवजणेचो लाव 1 ऑगस्ट 2025 ते 31 जुलय 2027 मजगती  निर्माण जाल्ल्या नोकऱ्यांखातीर लागू आसतलो.

म्हा /सप/    / विगां/ 2025/578

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.